**Panaji Regional 25th August 2025 7.25 am**

मुखेल खबरो :

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज दोन दिसांच्या गुजरात दौ-यार वतले. ते आयज सांजे अहमदाबादेत ५,४०० कोटी रुपयांच्या वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांचे उक्तावण करतले.

- लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी काल दिल्लीत ६८ व्या राष्ट्रकुल संसदीय परिषदेविशी आंतर-मंत्रालयीन बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळले.

- आंतरराष्ट्रीय अंतरिक्ष कैंद्राचेर इतिहासीक मिशन पुराय केल्या उपरांत अंतरिक्षयात्री शुभंशु शुक्ल आयज आपल्या मूळ गांव लखनौक परतून येतले. उत्तर प्रदेशाची राजधानी तांका येवकार दिवपाक आसा सज्ज.

- स्वातंत्र्यतायेच्या शताब्दी वर्सामेरेन म्हळ्यार - २०४७ मेरेन - खेळा क्षेत्रात संवसारात पयल्या पाच देशांमदी सुवात मेळोवपाचे भारताचे ध्येय आसा, अशे खेळा मंत्री मनसुख मांडवीय हांणी म्हळा.

मंत्री खाते

भाजपा मंत्रीमंडळात नव्यान मंत्रीपदाचो सोपूत घेतील्ले आमदार रमेश तवडकार आनी दिगंबर कामत हांका आयज खाती मेळतली. बरो म्हूर्त आशिल्ल्यान आयज सोमारा खातें वाटप जातलें, अशें भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामू नायक हांणी म्हळा.

इतले मजगती, हांवे भाजप फुडारी वा मुख्यमंत्र्यांकडेन मंत्रीपदूच मागूक नासले. जी खाती दिता त्या खात्यांक न्याय दिवपाचो मझो यत्न आसतलो, अशें मंत्रीपदाचो सोपूत घेतिल्ल्या रमेश तवडकार हांणी म्हळा. काणकोणचे आमदार रमेश तवडकार आनी मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांणी फाटल्या बिरेस्तारा मंत्रीपदाचो सोपूत घेतील्ले. राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी दोगांकूय

अधिकार तशेच गोपनीयतेचो सोपूत दिलो. दोगांकूय आजून मेरेन खात्यांचे वांटप जावंक ना.

**गोंय माध्यमिक**

गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमीक शिक्षण मंडळान धावी ते बारावी मेरेनच्या विद्यार्थ्यांक स्पर्धात्मक  परिक्षेची तयारी करपा खातीर फुकट मार्गदर्शन आनी प्रशिक्षण दिवपा खातीर आयआयटी कानपूरान विकसीत केल्ल्या ‘साथी’ ऑनलायन प्लॅटफॉर्मचो वापर करचो अशें सांगलां.

केंद्र सरकारच्या शिक्षण मंत्रालयान आयआयटी कानपूरच्या सहकार्यान साथी ॲप सुरू केलां, जें धावी ते १२ वी  वर्गांतल्या  विद्यार्थ्यां खातीर बोर्ड आनी स्पर्धात्मक परिक्षेची तयारी करपा खातीर फुकट एआय सक्षम  शिक्षण आनी मार्गदर्शन प्लॅटफॉर्म सुरू केला. साथी ॲप वापरपाक विद्यार्थांक कसलेंच शुल्क भरपची गरज ना.

**फलोत्पादन नाल्ल**

फलोत्पादन म्हामंडळ आयज आनीक 25 हजार नाल्ल हाडटलें. दोन खेपो हाडिल्ले 50 हजार नाल्ल हातोहात खपील्याची म्हायती म्हामंडळाचे वेवस्थापकी संचालक चंद्रहास देसाय हांणी दिली. राज्यात नाल्लांचे पीक सामके उणें आयिल्ल्यान नाल्ल बरोच म्हारग जाला. बाजारात 60 ते 100 रूपया अशें नाल्लाचे मोल आसा. हे फांटभुयेर भायल्या राज्यातल्यान नाल्ल हाडून तो लोकांक सवाय दरात उपलब्ध करपाचो उपक्रम फलोत्पादन म्हामंडळान सुरू केला.  आता मेरेन दोन खेपो कर्नाटकातल्यान वट्ट 50 हजार नाल्ल हाडले.  हे सगळे नाल्ल खपल्यात. आयज सोमारा 25 हजार नाल्ल पावपाचे आसात. कर्नाटकातल्यानूच ते येतली, अशी म्हायती वेवस्थापकी संचालक चंद्रहास देसाय हांणी दिली.

ओ कोकेरो जंक्शन ते मॉल दी गोवा रस्तो बंद -

ओ कोकेरो जंक्शन ते मॉल दी गोवा रस्त्याची दावी बाजू २४ ऑगस्ट ते ३१ जानेवारी २०२६ मेरेन बंद आसतली. भौशिक बांदकाम खात्यान तसो आदेश जारी केला. उड्डाण पुलाच्या कामाखातीर हो निर्णय घेतला अशें अधिका-यांनी सांगले. प्रकल्प बेगीन आनी सुरळीत पुराय जावचो हेखातीर आनी प्रवाशांचे सुरक्षेखातीर हो निर्णय घेतला. ह्या काळात थळाव्यांची आनी प्रवाशांची गैरसोय जावची न्हंय म्हूण पर्यायी मार्गाची वेवस्था केल्या अशें कार्यकारी अभियंते आनी राश्ट्रीय म्हामार्ग ६६चे प्रशासक जूड ए डी कार्व्हालो हांणी सांगले. ह्या काळांत सगळी येरादारी बोरकार रस्तो मार्गान जातली. तशेच गरजेच्या सुवांतेर 'डायव्हर्जन' आनी 'नो पार्किंग' अशें तक्ते लायतले.

**हवामान**

हवामान खात्यान गोंयांत २६ तें २९ आगश्ट मेरेन मध्यम स्वरूपाच्या पावसाची शक्यताय उक्तायल्या. ते प्रमाण फुडल्या तीन दिसांखातीर राज्यांत पावसाचो यलो एलर्ट एलर्ट जारी केला. आयज राज्यांत किरकोळ पावस पडपाची शक्यताय आसा.फुडलया ५ दिसांत गोंयांतले तापमान चडांत चड २९ तें ३० अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान २४ अंश सेल्सियस मेरेन आसपाची शक्यताय आसा.

तिरंदाजी - ६०

कॅनडातल्या विनिपेगात जाल्ल्या संवसारीक युवा तिरंदाजी वस्दादपण सर्तीच्या १८ वर्सां पिराय सकयल्ल्या वैयक्तिक रिकर्व्ह सर्तीत भारताच्या शर्वरी सोमनाथ शिंदे हिणे भांगरापदक मेळयले. रोमांचक निमण्या फेरीयेत तीणे दक्षिण कोरियाच्या किम येवोनाक ६आड५ अशें हारयले.

हे सर्तीत भांगरापदक मेळोवपी शर्वरी शिंदे ही दुसरी भारतीय बायल खेळगडे आसा. ते आदी, चिकिता तनिपार्थीन २१ वर्सां पिराय सकयल्ल्या वैयक्तिक कंपाउंड सर्तीत वस्तादपण मेळयल्ले.